Akashwani Panaji 6th September 2026 National news 8.40 am

*राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी dr दिनेश शर्मा हांची अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचे लेफ्टनंट गव्हर्नर म्हणून नेमणूक केल्या.

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी भारतीय तरणाट्यांक संवसारांत फुडाकार घेवपाक उलो मारला.

* केंद्रीय गृहमंत्री अमित शह आयज गोंयांत अस्तंत विभागीय मंडळाचे 28वे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले.

* ब्रिक्स 2026चो अध्यक्ष म्हूण भारत 12-13 सप्टेंबराक नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमात18वे ब्रिक्स शिखर परिशदेचें आयोजन करतले.

PRES

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी dr दिनेश शर्मा हांची अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचे लेफ्टनंट गव्हर्नर म्हणून नेमणूक केल्या. ऑक्टोबर 2017 सावन जुंव्यांचे लेफ्टनंट गव्हर्नर म्हणून काम करपी एडमिरल देवेंद्र कुमार जोशी हांचे उपरांत शर्मा पदभार सांबाळतले .सध्या ते उत्तर प्रदेशांतले राज्यसभा खासदार आसात आनी राज्याचे उपमुख्यमंत्री म्हणूनय काम केला .

राष्ट्रपती

दर्जेदार शिक्षणांतल्यानच विकसीत भारताचें ध्येय साध्य जाता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. शिक्षक दिसा निमतान नवी दिल्लींत जाल्ल्या राष्ट्रीय शिक्षक पुरस्कार 2026 सुवाळ्यांत त्यो उलयताल्यो.

हयावेलार ताणी 27 राज्यां, सात केंद्रशासित प्रदेश आणि केंद्र सरकारच्या स संस्थांल्यान वेंचून काडिल्ल्या 48 शिक्षकांक राष्ट्रीय शिक्षक पुरस्कार भेटयले. हतुत दक्षिण गोंयच्या गुजराती समाज खाशेल्या शाळेंतले शिक्षक महादेव हणमंत शिंदे हांचो आसप्व आसा . शिक्षक हे देशाचे राष्ट्रनिर्माते आसात अशे ताणी सांगले.

PM

पाठ्यपुस्तकां भायर वचून विद्यार्थ्यांचें भुरगेपण तिगोवन दवरून तांचे जिणेक आकार दिवपाचे आवाहन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी शिक्षकांक केले . . Bytes २०

नवी दिल्लींत राष्ट्रीय शिक्षक पुरस्कार जैतीवंता वांगडा उलोवप करतना तांणी शिक्षकांक विद्यार्थ्यांच्या जिविताचो एक भाग जावचें अशें आवाहन केलें. तशेंच भुरग्यां मदीं वाडत आशिल्लो स्क्रीन टाइम उणो करपा खातीर तांणी सांगलें .

प्रधानमंत्री काल सांजवेळा दिल्ली विद्यापिठांत श्री राम कॉलेज ऑफ कॉमर्साच्या शतवार्षिक उत्सवांत उलोवप करताले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी भारतीय तरणाट्यांक सपन पळोवपाक आनी संवसारांत फुडाकार घेवपाक सक्षम अशीं जागतीक सल्लागार, लेखा, अर्थीक आनी कायदेशीर फर्मा उबारपाक उलो मारला . आयज भारतीय लोक संवसारांतल्या पयल्या क्रमांकाच्या कंपनींनी फुडाकार घेतात अशे प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. Generation byte संवसारीक अनिश्चितताये मदीं भारताची 7.8 टक्क्यांनी त्रैमासिक वादीतल्यान ताचें अर्थीक बळगें दिसून येता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. भारत संवसार नेटान वाडपी व्हड अर्थवेवस्था जावपाची मोख दवरता अशें तांणी सांगलें.

एप्रिल ते जून ह्या काळांत वीज उत्पादनांत 9 टक्क्यांनी वाड जाल्या अशें तांणी सांगलें . ह्या काळांत एकंदर वाहन विक्रींत 20 टक्क्यां परस चड वाड जाल्या, ताका लागून दोन चाकी वाहनांत 20 टक्क्यांनी आनी तीन चाकी वाहनांत सुमार 30 टक्क्यांनी वाड जाल्या अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. ECONOMY byte

shah

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह काल रातीं तीन दिसांच्या भोंवडेर गोंयांत पावले आनी ह्या वेळार ते अस्तंत विभागीय मंडळाचे 28वे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. आयज ते गृह मंत्रालयाचे बसकेचे अध्यक्षपद, पत्रकार परिशद उलोवप आनी भाजपाच्या नव्या राज्य कार्यालयाचें उक्तावण करपाचे आसात.

अमित शाह आयज गोंय संबंदीत म्हत्वाच्या गजालींचो नियाळ घेवपा खातीर बसकेंत वाटेकर जातले. भाजपाच्या नव्यान बांदिल्ल्या राज्य कार्यालय अटल भवनाचे उक्तावण करचे पयलीं ते पत्रकार परिशदेत उलोवप करतले . मंत्री शाह पक्षाचे राज्य कोर समिती कडेनय बसका घेतले. फाल्यां ते अस्तंत विभागीय परिशदेची बसकेंत वाटेकर जातले आनी गोंय पुलिसांक President’s Police Colour प्रदान केले

neet

वैजकी विज्ञानांतल्या राष्ट्रीय परिक्षा मंडळान जयपूरांतल्या आयओएन डिजिटल झोन, सीतापुरा चांचणी केंद्रांतल्या बाधित उमेदवारांक NEET-PG 2026 परिक्षा येसस्वीपणान केल्या. भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत , ही परिक्षा जयपूरांतल्या पांच चांचणी केंद्रांनी सुरक्षीत, आनी पारदर्शक पद्दतीन जाली, आनी काल ती सुगमतायेन सोंपली अशे कळयलें .

brics

ब्रिक्स अध्यक्ष 2026 म्हूण भारत 12-13 सप्टेंबराक नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमात18वे ब्रिक्स शिखर परिशदेचें आयोजन करतले.ह्या फॅटभुयेर , आयब्रिक्स शिखर सभेंत 500 परस चड संस्थात्मक गुंतवणूकदार, अर्थमंत्री आनी वेवसायीक फुडारी वाटेकर जातले . दोन दिसांची ही शिखर परिशद मुळावी बांदावळ, उर्जा, आनी डिजिटल क्षमता प्रकल्पां कडेन जोडपा खातीर 21 ब्रिक्स वांगडी राज्यांनी आनी भागीदार राश्ट्रांनी तयार केल्या. आयब्रिक्स शिखर सभेंत वांटो घेवपी सार्वभौम संपत्ती निधी, निवृत्ती वेतन निधी आनी कुटुंब कार्यालयां वट्ट 1 ट्रिलियन अमेरिकन डॉलर संपत्ती वेवस्थापन करतात.

Singh

विदेश वेव्हार राज्यमंत्री कीर्ति वर्धन सिंग काल चार दिसांच्या भोंवडेर साउदी अरेबियाच्या रियाद शारांत पावले .

भारतीय राजदूत विपुल आनी साउदी अरेबियाचे आंतरराष्ट्रीय वेव्हार उपमंत्री, मनीस संसाधन आनी समाजीक उदरगत मंत्रालयाचे ,दोतोर तारिक अल हमद हांणी तांकां येवकार दिलो. साउदी समकक्षां कडेन संवाद सादपाची आनी राज्यांतल्या भारतीय लोका कडेन आनी वेवसायीक फुडार्‍यां कडेन अर्थपूर्ण संवाद सादपाची इत्सा आसा अशें तांणी सांगलें.

स्पोर्ट्स

भारतीय हवामान खात्यान आयज बिहार, उदेंत राजस्थान, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, मध्य प्रदेश उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड आनी ईशान्य राज्यांच्या कांय वाठारांनी उतन्पागाराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला

sports

भारतीय बायलांच्या पंगडान आशिया करंड टी-20 क्रिकेट सतींत पाकिस्तान पंगडाक 7 विकेटींनी हारायलो.

Partun ekfavt aycho mukhel khabro

*राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी dr दिनेश शर्मा हांची अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचे लेफ्टनंट गव्हर्नर म्हणून नेमणूक केल्या.

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी भारतीय तरणाट्यांक संवसारांत फुडाकार घेवपाक उलो मारला.

* केंद्रीय गृहमंत्री अमित शह आयज गोंयांत अस्तंत विभागीय मंडळाचे 28वे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले.

* ब्रिक्स 2026चो अध्यक्ष म्हूण भारत 12-13 सप्टेंबराक नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमात18वे ब्रिक्स शिखर परिशदेचें आयोजन करतले.